Akashwani panaji national news 8.40 am 2nd June 2026

* म्यानमाराचो प्रदेश भारताच्या सुरक्षा हिताच्या आड वापरपाक मेळचो ना अशें म्यानमाराचे राष्ट्राध्यक्ष U Min Aung Hlaing हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांका आश्वासन दिलां.
* सर्वोच्च न्यायालयांत नव्यान नेमिल्ले पांच न्यायाधीश आयज सोपूत घेतले.
* कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता मंत्रालयान नवी दिल्लींत इंडिया स्किल एक्सिलरेटराचे उचेल्या पांवड्यावेले परिशदेचें आयोजन केलें.
* भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन काल नवी दिल्लींत पक्षाचे वरिश्ठ पदाधिकारी आनी कार्यकर्ते हांचे कडेन बसका घेतली.

Pm

म्यानमाराचो प्रदेश भारताच्या सुरक्षा हिताच्या आड वापरपाक मेळचो ना अशें म्यानमाराचे राष्ट्राध्यक्ष U Min Aung Hlaing हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांका आश्वासन दिलां. काल नवी दिल्लींत वेपार, संरक्षण, उर्जा आनी जोडणी ह्या मळार द्विपक्षीय संबंद वाडोवपा खातीर दोनूय फुडाऱ्यांनी व्यापक उलोवणी केली. U Min Aung Hlaing भारताचा पांच दिसांच्या भोंवडेर आसा. प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्यानमाराच्या सार्वभौमत्व आनी प्रादेशिक अखंडते खातीर भारताचो आदर आसा अशे सांगले आनी दोनूय वटांनी आपल्या सुरक्षा हिताक 'दुस्मानपणाच्या' कार्यावळीं खातीर सार्वभौम प्रदेशाचो गैरवापर आडावपाचें म्हत्व स्पश्ट केलां अशें मिसरी हांणी सांगलें.म्यानमार वटेनच्यान ईशान्येक वावुरपी कांय आतंकवादी गटांचो प्रस्न प्रधानमंत्र्यांनी मांडला अशें विदेश वेव्हार सचीव मिश्री हानी सांगलें. दोनूय वटांनी जाल्ल्या उलोवपांत वेपार आनी अर्थीक संबंद, संरक्षण आनी सुरक्षा संबंदीत प्रस्न, शिमो वेवस्थापन, उदरगत मजत, तशेंच प्रादेशिक परिस्थितीचो आस्पाव आशिल्ल्या द्विपक्षीय प्रस्नांचेर भर दिल्लो .दोनूय वटांनी खास करून वेपार आनी गुंतवणूक, भलायकी, शिक्षण, उर्जा, कृत्रीम बुध्दी सारकिल्या गंभीर तंत्रगिन्यानाच्या मळार सहकार घडोवपाची इत्सा उक्तायली. राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत डोवाल हांणी राष्ट्राध्यक्ष

Hlaing कडेन  द्विपक्षीय  संबंदीत मुखेल प्रस्नांचेर चर्चा केली.म्यानमाराच्या फुडाऱ्या वांगडा जायते मंत्रीमंडळ मंत्री, वरिश्ठ अधिकारी आनी वेवसायीक फुडारी आशिल्ले उंचेल्या  पांवड्यावेले शिश्टमंडळ आसात. म्यानमारचो राष्ट्राध्यक्ष आयज वेवसायीक आनी उद्देगीक संवाद आनी स्थळ भेटी खातीर मुंबयत  पावतले .

Judges

सर्वोच्च न्यायालयांत नव्यान नेमिल्ले पांच न्यायाधीश आयज सोपूत घेतले. भारताचे मुखेल न्यायाधीश सूर्य कांत न्यायाधीशांक पदाचो सोपूत दितले. राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू हांणी भारताच्या मुखेल न्यायाधीशा कडेन सल्लो घेवन सर्वोच्च न्यायालयांत पांच नवे न्यायाधीश नेमल्यात.कायदो मंत्रालयान जारी केल्ले अधिसुचोवणे प्रमाण पंजाब आनी हरियाणा उच्च न्यायालयाचे मुखेल न्यायाधीश शील नागू, मुंबय उच्च न्यायालयाचे मुखेल न्यायाधीश न्यायाधीश चंद्रशेखर, मध्यप्रदेश उच्च न्यायालयाचे मुखेल न्यायाधीश न्यायाधीश संजीव सचदेव आनी जम्मू-काश्मीराचे मुखेल न्यायाधीश आनी लद्दाख उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश अरुण पल्ली हांकां सर्वोच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश म्हणून नेमतले . तशेंच वरिश्ठ वकील वेंकिता सुब्रमणि मोहनाचीय सर्वोच्च न्यायालयांत न्यायाधीश म्हणून नेमणूक जाल्या.

skill dev

कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता मंत्रालयान  नवी दिल्लींत इंडिया स्किल एक्सिलरेटराचे उचेल्या  पांवड्यावेले  परिशदेचें आयोजन केलें. मंत्रालयान संवसारीक अर्थीक माचयेच्या  सहकार्यान फ्रॉम इनसाइट टू ऍक्शन: क्लोजिंग स्किल गॅप्स फॉर ग्रोथ ह्या विशयांतल्यान ताचें आयोजन केलें.कुशळटाय उदरगत आनी उद्देजकतेचे राज्यमंत्री जयंत चौधरी हांणी ह्या मेळाव्याक मार्गदर्शन  करतना , कुशळटाय विकसीत जावपी उद्देगीक मागणी आसल्यार भारताची लोकसंख्याशास्त्रीय बळगें संवसारीक वाडीचो मुखेल चालक जावंक शकता अशे सांगलें . फुडाराक  कामगार बळ तयार करपा खातीर सरकार, उद्देग आनी शिक्षणीक मळां मदीं सहकार्याची गरजेचेर तांणी भर दिलो. ह्या निमतान ईशान्य प्रदेशाचे शिक्षण आनी उदरगत राज्यमंत्री डॉ.सुकांत मजुमदार हांणी शिक्षण आनी रोजगारक्षमता  मदीं खोलायेन एकात्मता

करपाचा  गरजेचेर भर दिला. नेटान विकसीत जावपी उद्देगांची मागणी पुराय करपा खातीर शिक्षणीक संस्थांनी शिकपी लोकांक संबंदीत कुशळटाय, अनुकूलताय आनी आजीवन शिकपाची मानसिकताय सज्ज करची पडटली अशें तांणी सांगलें. ह्या  परिशदेंत कामगार बाजारपेठेचे मुखेल प्रवृत्ती वळखुप, आनी गंभीर कुशळटायेच्या अंतरांक फुडो करप खातीर भागीदारी वाडोवपाचेर भर दिल्लो.

Bjp

भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन काल नवी दिल्लींत पक्षाचे वरिश्ठ पदाधिकारी आनी कार्यकर्ते हांचे कडेन बसका घेतली. प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना पक्षाचे खासदार आनी प्रवक्ते dr संबीत पात्रा हांणी नरेंद्र मोदी सरकाराची 12 वर्सांची सेवा, संघटनात्मक विस्तार, आनी समाजांतल्या वेगवेगळ्या वर्गांतल्यान पक्षाची पातळी वाडोवपाचो हेतू आशिल्ल्या फुडाराच्या उपक्रमांचेर भर दिवपी मुखेल तपशील वांटले.सरकार 12 वर्सां पदार्पण करता अशें तांणी सांगलें, आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला भारत देशाची   प्रगती जावन , दरेका क्षेत्रांत उदरगत जायत आसा. भारतीय जनता पार्टी आनी एनडीए हांकां 22 राज्यांनी सरकारांत सेवा दिवपाची संद मेळ्ळ्या अशें  पात्रा हांणी सांगलें.

Railway

अस्तंत आशियांतल्या चालू भूराजनीतीक परिस्थितीक लागून आनी रसद आनी पुरवण साखळीचेर ताच्या अप्रत्यक्ष परिणामांक  लागून आव्हानां आसून लेगीत भारतीय रेल्वे कंपनीन अंदू मे म्हयन्यांत 14.5 कोटी टन मेरेन महाल साध्य केलां. फाटल्या वर्साच्या त्याच काळा परस ही 1.3 टक्क्यांनी वाड जाल्या अशें रेल्वे मंत्रालयान सांगलां. लोखण धातु, तिखें आनी सारें सयत बरी कामगिरी जाल्ल्यान ही वाड जाली. भारतीय रेल्वेन कोळशाच्या हालचालीक प्राधान्य दिलें आनी उश्णताय वीज प्रकल्पांची गरज भागोवपा खातीर आनी उर्जा सुरक्षा सुनिश्चीत करपा खातीर ताच्या संक्रमणाचेर बारीकसाणेन नदर दवरली.मजगतीं, अंदू मे म्हयन्यांत भारतीय रेल्वेन 61 कोटी परस चड प्रवासी व्हरले, जाल्यार फाटल्या वर्साच्या त्याच काळांत सुमार 59 कोटी प्रवासी व्हरले अशे

सांगला . ही वाड मुखेलपणान बिगर उपनगरीय विभागाक लागून जाल्या, तातूंत 7.4 टक्क्यांनी वाड जाल्या आनी प्रवाशांचो आंकडो 28 कोटींतल्यान 30 कोटी मेरेन वाडला.

Bhashini

डिजिटल इंडिया भाशिनी विभागान भाशिनीतल्यान  भारताच्या पुराय उद्देगांत आनी अंतर्गत वेपार पर्यावरण प्रणालींत बहुभाषी डिजिटल क्षमता घटमूट करपा खातीर उद्देग आनी अंतर्गत वेपार प्रसार विभाग, डीपीआयआयटी कडेन कबलात केल्या. इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी आयटी मंत्रालयान , ह्या सहकार्याचो हेतू डीपीआयआयटीच्या डिजिटल प्लॅटफॉर्मां वरवीं बहुभाशीक प्रवेश, बहुभाशीक शासन, आनी बहुभाषी सेवा दिवपाचो प्रसार करपाचो आसा अशे सांगला . सरकारी म्हायती मेळोवपाक, स्टार्टअप आनी उद्देगीक सेवा, धोरण संवाद, आनी नागरिकांच्या सहभागांत भाशेची आडमेळीं उणी करून चड समावेशक गुंतवणूक पर्यावरण प्रणालीच्या विकासाक हो उपक्रम आदार दितलो. समावेशक, सुलभ आनी एआय चालीक लायिल्ल्या डिजिटल शासनाक भारताची लोकसंख्ये प्रमाण मुळावी बांदावळ म्हूण भाशिनीची भुमिका आनीक बळकट जाता.

Pres

भारताच्या नेबरहुड फर्स्ट, ऍक्ट ईस्ट, आनी महासागर धोरणांत म्यानमार म्हत्वाचो भागीदार आसा अशें राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू हांणी  सांगलें. राष्ट्रपती भवनांत म्यानमाराचे राष्ट्राध्यक्ष U Min Aung Hlaing हांका येवकार दितना राष्ट्रपती मुर्मू हांणी , भारत आनी म्यानमार हांचे मदीं शेंकड्यांनी वर्सां  खोलायेन सांस्कृतीक आनी आध्यात्मिक संबंद आसात अशे ताणी सांगले . भारता कडेन म्यानमाराचे म्हत्वाचे संबंद उजवाडाक हाडून राष्ट्रपती मुर्मू हाणी , भारता कडेन  शिमो वांटून घेवपी हो एकमेव आशियाई देश आसा . म्यानमाराचे  राष्ट्राध्यक्ष  म्हूण पदभार घेवपा खातीर राष्ट्राध्यक्ष ह्लांग हांकां परबीं दितना राष्ट्रपती  मुर्मू हांणी , द्विपक्षीय भागीदारी आनीक घटमूट करपा खातीर नव्या सरकारा वांगडा  काम करपाची संधी  भारत देश

घेता . म्यानमार सरकाराच्या यत्नांक आदार दिवपाक भारत तयार आसा अशें राष्ट्रपतींनी उक्तायलें.

Goyal

स म्हयन्यां पयली जाल्लो भारत-ओमान व्यापक अर्थीक भागीदारी करार - सीईपीए लागू जाला अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमाक मार्गदर्शन करतना गोयल हानी सेपा हो फकत वेपारी करार न्हय तर संस्कृतायेच्या विस्वासाचें विधान अशे आसा . ही व्यापक कबलात ओमाना कडेन भारताच्या संबंदांत नवी गती जोडटली अशें मंत्री गोयल हांणी स्पष्ट केले . केंद्रीय मंत्र्यान म्हायती दितना पयल्या दिसा सावन भारतान ओमानांतल्या भारताच्या 99 टक्क्यां परस चड निर्यातीचो आस्पाव आशिल्ल्या ओमानाच्या 98 टक्के दर मार्गांचेर शुल्क मुक्त प्रवेश मेळयतलो अशे सांगले. हो करार लागू जातकच भारताचे कामगार, एमएसएमई आनी कापड, खेळां कपडे, उत्पाद, फार्मा आनी वैजकी उपकरणां,, मोटारी आनी दर्यांतले उत्पादनां अशा वेगवेगळ्या क्षेत्रांतले निर्यातदार ओमानी बाजारांतल्या सर्तकांच्या आड प्राधान्य प्रवेशाचेर पावल दवरतले अशें तांणी सांगलें.

Partun ek favt aycho mukhel khabro

* म्यानमाराचो प्रदेश भारताच्या सुरक्षा हिताच्या आड वापरपाक मेळचो ना अशें म्यानमाराचे राष्ट्राध्यक्ष U Min Aung Hlaing हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांका आश्वासन दिलां.

* सर्वोच्च न्यायालयांत नव्यान नेमिल्ले पांच न्यायाधीश आयज सोपूत घेतले.

* कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता मंत्रालयान नवी दिल्लींत इंडिया स्किल एक्सिलरेटराचे उचेल्या पांवड्यावेले परिशदेचें आयोजन केलें.

* भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन काल नवी दिल्लींत पक्षाचे वरिश्ठ पदाधिकारी आनी कार्यकर्ते हांचे कडेन बसका घेतली.